**ज्ञानाच्या भागीदारी खातीर गोंय सरकाराची इंडियन स्कूल ऑफ बिझनेस वांगडा कबलात**

ता. 9 ऑगस्ट 2023

गोंय सरकारान राज्यांत पुराव्याचेर आदारीत धोरण तयार करप आनी ताचो प्रभाव हाचेर लक्ष केंद्रीत करून ज्ञान भागीदारी सुरू करपा खातीर भारती इन्स्टिट्यूट ऑफ पब्लिक पॉलिसी, इंडियन स्कूल ऑफ बिझनेस (ISB) हांचे वांगडा काल एक समजीकाय कबलात केली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत गोंय सरकाराच्या नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालयाचे संचालक विजय बी सक्सेना आनी भारती संस्थेचे कार्यकारी संचालक प्रो. अश्विनी छत्रे हांणी कबलातीचेर स्वाक्षरी केली. मुख्यमंत्र्यांचे सचीव श्री अजित रॉय आनी भारती संस्थेचे संचालक डॉ आरुषी जैन हांचीय ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

ज्ञान भागीदार म्हूण भारती संस्था ह्या कबलाती प्रमाण पुरावो आदारीत भौशीक धोरण, कार्यक्षमता वाड कार्यशाळा आनी लोक-केंद्रित प्रशासन-आदारीत उपक्रमां वरवीं समाजीक आनी आर्थिक उदरगतीच्या निर्देशकांत सुदारणा करपा खातीर राज्य सरकाराक मदत करतली.

ज्ञान भागीदारी कबलाती अंतर्गत क्षमतावाड उपायांचो एक भाग म्हूण भारती संस्था गोंय भौशीक प्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्था (GIPARD) हांच्या सहकार्यान राज्य सेवेच्या अधिकाऱ्यांखातीर कार्यशाळा आयोजीत करतली. ह्या कार्यशाळांनी धोरणात्मक समस्या, नवीन तंत्रज्ञान, शाश्वता, नेतृत्व आनी डिजिटल बदलांसयत हेर प्रस्नांचेर लक्ष केंद्रित करतले.

भारती इन्स्टिट्यूट गोंय सरकाराच्या माहिती तंत्रज्ञान खात्याच्या सहकार्यान गोवा ओपन डेटा पोर्टल विकसित करेली, जाचो फायदो नागरिकांक ओपन डेटा मेळपाक आनी संवाद सादपा खातीर 'वन-स्टॉप डेस्टिनेशन' म्हूण जातलो.

राज्यांत जैव-उर्जा साठ्यांचो वापर, रानआदारीत समाजाचे सशक्तीकरण, राज्यांत खाजगी गुंतवणूकीक आकर्शित करप, महिलां उद्देग आनी समाजीक उद्देगांक मदत करप, डिजिटल आनी यांत्रिक मदत, मार्केट लिंकेज आनी हेर बाबतीत संस्था सेवा दितली.

ह्या भागीदारीखाला गोंय विधानसभेची तांक वाडोवपाखातीर विधिमंडळ सहाय्य कार्यक्रम सुरू करपात येतले. तशेंच आमदारांखातीर क्षमतावाड कार्यशाळा आयोजीत करपात येतल्यो.

ज्ञान भागीदारीखाला गोंय सरकाराचे शिक्षण खाते, उच्च शिक्षण आनी तंत्रशिक्षण खात्याक प्रशिक्षण, शिक्षणाचो दर्जो वाडोवप आनी शिक्षणाचे सक्षमीकरण करपाक संस्थेकडल्यान सहकार्य मेळटले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/622

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.